Panaji Regional

13th July 2025 7.25am

मुखेलमंत्री - 190

मुल्यवर्धक शिक्षणाच्या माध्यमातल्यान विद्‌यार्थ्यांक न्याय, स्वातंत्र, समता, भावपण हाचेविंशी जाणवीकाय येवची म्हण यत्ता पयली ते 8 वीच्या विद्‌यार्थ्यांक शिक्षण दितात. हे शिवाय आठवीच्या विद्‌यार्थ्यांक शेतकी, नर्सिंग, वोकेशनल अभ्यासक्रम अशे मनीसबळ तयार करपी प्रशिक्षण ह्या शिक्षणाच्या माध्यमातल्यान दिता अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मुल्यवर्धन उपक्रमावरवी शिक्षण खात्यान , तशेच गोंय शिक्षण उदरगत म्हामंडळान आयोजित केल्या तीसऱ्या आवृत्तीच्या वर्च्युअल कार्यावळीवेळार उलयतना दिली.

ह्यावेळार वेगवेगळ्या शाळांच्या मुख्यध्यापकांनी, तशेंच शिक्षक, विद्‌यार्थी आनी पालकांनी ह्या वर्च्युअल परीशदेत वाटो घेतिल्लो. गोंयचो शिक्षण मळ घटमुट करतना बऱ्या सांलांच्या इमारतीसयत, स्मार्ट बोर्ड, ग्रीन स्कुल संकल्पनेवरवी शाळा, डीजीटल टुल्सांचो उपेग करुन विद्‌यार्थ्यांक शिक्षण दिवपाक गोंय सरकार महत्व दिता अशें शिक्षण मंत्री तशेंच मुखेलमंत्री सावंत हांणी ह्यावेळार म्हणला.तशेचं 440 सालातंल्यान सध्या 65 हजारावयर विद्‌यार्थी कोडींग आनी रोबोटीक विशयाचे शिक्षण घेतात अशी म्हायती तांणी दिल्या. जाल्यार मुल्यवर्धक शिक्षणाचो लाव सुमार 80 हजार विद्‌यार्थ्यांक जाला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

मुल्यवर्धन शिक्षमावरवी कोयराचो विल्हो कसो लावप, शारीरीक कवायती, योगा, तशेंच रस्त्याचे नेम कशे पाळप हे विशी लेगीत विद्‌यार्थ्यांकं शिकयतात अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यांनी दिली.
वर्च्युल पध्दतीन जाल्य ह्य कार्यावळीक शिक्षण संचालक शैलेश ढिंगडे, गोयं सिक्षण उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष गोविंद पर्वतकार, मुक्ता फांऊंडेशनचे शांतीलाल मुक्ता ,तशेंच शिक्षण खात्यातले हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

रो- रो फेरीबोट 105

रायबंदर चोडण रो- रो फेरीबोट सेवेचे फाल्या  उक्तावण जातले अशी म्हायती न्हंय येरादारी मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या. ह्या मर्गाचेंर द्वारका आनी गंगोत्री ह्या नावाच्यो दोन रो - रो फेरीबोटी सुरु जातल्यो अशी म्हायती फळदेसाय हांणी मुखार दिल्या.

ह्या फेरीबोटीत 15 मोटरी, 40 मोटरसायकली आनी 100 पेसेंजर  व्हरपाची ताक आसा, जाल्यार रायबंदर ते चोडण न्हंयमार्ग ती वट्ट 7 मनिटांनी पार करतली. त्या भायर गाडयांची शिस्तीत पार्कींग जावची म्हण पार्कींगाची आखणी, प्रवाशांक वातानुकीलीत बसपाची क्षमताय, आसा अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दिल्या. पर्यटकांची आदार कार्ड तपासुन तांका फेरीबोट प्रवासाखातीर शुल्क  लायतले.  जर खंयच्या  प्रवासाची भलायकी  इबाडली जाल्यार  प्रथमोपचार दिवपी सुविधा ह्या बोटीत आसा अशी माहिती फळदेसाय हाणी दिली.

दर्याचे बेसांव - 120

दर्यात नुस्तेमारीची व्हडी सोडच्याआदी कोलवा, बाणावली आनी वार्का च्या पारंपारिक रांपणकारांच्यावतीन दर्याचे बेसांव घेवपाखातीर मार्ग हो विधी जाता. ह्यावेळार दर्याच्या देगेर आशिल्ल्या खुरसाची लादिन जाता. आनी त्या उपरांत नुस्तेकार आपल्या व्हड्यांचेर आनी नुस्ते मारपी जाळ्यांचेर देवाची प्रार्थना करुन आशिर्वाद घेतात.

काल  हो विधी वार्का  जालो. बाणावलेच्या होली ट्रिनिटी चर्चचे फा. क्लिफर्ड फर्नांडिस हांणी ह्यावेळार देवाची प्रार्थना करुन सांगणी केली. उपरांत व्हड्यांचेर अानी जाळ्यांचेर देवाचो आशिर्वाद घालो. ही प्रथा जाल्या उपरांतच पारंपारिक रांपणकार पावसाउपरांत आपली व्हडी दर्यात सोडतात अशी म्हायती थळावे नुस्तेकार पेले फर्नांडिस हांणी दिली.

सध्या गोंयांत नुस्तेमारी बंदी लागू आसली तरी एक एकोडो मोटर वापरुन नुस्तेमारी करपी पारंपारिक व्होडेकारांक ही बंदी लागू जायना. जर दर्या शांत आसलो जाल्यार आयतारा वा फाल्या सोमारा  आमी आमची नुस्तेमारी सुरु करतले अशें फर्नांडिस हांणी सांगलें.

स्मार्ट सिटी - 65

भारताच्या निवळ शारां मदलें एक शार म्हूण स्मार्ट सिटी पणजीक नितळसाण, नितळसाण, आनी टिकावू शारी उदरगतीच्या मळार केल्ल्या अपवादात्मक कामगिरीची वळख करून दिवन स्वच्छ सर्वेक्षण 2024 वर्साचो प्रतिश्ठीत राष्ट्रपती पुरस्कार फावो जाला.

स्वच्छ सर्वेक्षण 2024 केल्ल्या सर्वेक्षणावरवी पणजी शाराची नितळसाणीखातीर निवड जाल्या. राष्ट्रपती द्रोपदी मुर्मु हांच्या हस्तुकी 17 जुलयाक नवी दिल्लींत हो पुरस्कारर दितले. पणजी म्हापालीकावतीन मेयर रोहित मोन्सेरात आनी पणजी म्हापालीकेचे आयुक्त क्लेन मदेरा हो पुरस्कार स्विकारतले.

Sports – 40

पोलंडाची इगा स्वियातेक हिणें विम्बल्डन सर्तींत बायलांच्या एकोड्या गटांतलें वस्तादपण जोडून इतिहास घडयलो. स्वियातेक हिणें फायनलींत अमेरिकेचे अमाण्डा अनिसिमोवा हिका 6-0 आनी 6-0 अशा सरळ सेटांनी हारोवन आपलो पयलो विम्बल्डन आनी वट्ट सवे ग्रॅण्ड स्लॅम किताब जिखलो.